**देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावप प्रत्येक नागरिकाची जापसालदारकी- खंवटे**

ता. 27 जानेवारी 2025

भारतीय संविधानाचे शिल्पकार डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांच्या योगदानाचो उगडास करून पर्यटन मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी देशाच्या संविधानाप्रती समर्पित जावप प्रत्येक नागरिकाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचें सांगलें. श्री. खंवटे म्हापसा हांगा ओयाजीत प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत उलयताले.

फुडें उलयतना श्री. खंवटे हांणी सांगलें, प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशाच्या उदरगतीची वाटचाल नेटान चालू आसा. तशेंच गोंय राज्य लेगीत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या सक्षम फुडारपणाखाला प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारता. गोंय हे सैमिक सोबितकाय आनी समृध्द कला-संस्कृतीचे दायज लाभिल्ले राज्य आसून गोंयचे लोक आदरान आनी शांतीकायेन रावपी आसात.

राज्य सरकारान युवक, महिला, शेतकार आनी गरीब लोकांच्या कल्याणा खातीर येवजणो चालीक लायल्यात. पर्यटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेक योगदान दिवपी म्हत्वाचो वेवसाय आसून ह्या क्षेत्रांत आवश्यक साधनसुविधां निर्माण करून राज्यांत भेट दिवपी पर्यटकांक बऱ्यो सुविधा दिवपाचो तशेंच युवकांक ह्या क्षेत्रांत रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध करून दिवपाक सरकार प्रयत्न करता, अशें तांणी सांगलें.

सरकार राज्यांत पारंपरीक उत्सवांक प्रोत्साहन दिता. अनेक पर्यटन थळांच्या विकासाची कामा सरकारान सुरू केल्ली आसात. फर्मागुडी फोंडा हांगा छत्रपती शिवाजी महाराज वस्तुसंग्रहालय उभारपाचो सरकारचो विचार आसा, अशें तांणी सांगलें.

सरकारान हालीच पोरण्या गोंया सेंट फ्रांसिस झेव्हियर पवित्र शव दर्शन सुवाळ्याचे यशस्वी आयोजन केले, अशेंय तांणी सांगलें. श्री. खंवटे हांणी राज्य आनी लोकांच्या विकासा खातीर कल्याणकारी येवजणो आनी प्रकल्प हातांत घेवपा खातीर लोकांनी सरकारच्या प्रयत्नांक सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. पुंडलीक खोर्जुवेकर, उपजिल्हाधिकारी श्रीमती वर्षा परब, उपजिल्हाधिकारी-2 पांडुरंग गाड, मामलेदार अनंत मळीक, हेर सरकारी अधिकारी आनी नागरिक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/100

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.